# विकसीत गोंय-2037 आनी विकसीत भारत-2047 खातीर गोंयच्या जनतेन योगदान दिवपाचो मुख्यमंत्र्यांचो उलो

ता. 30 मे 2025

स्वयंपूर्ण गोंय निर्माण करून विकसीत गोंय-2037 आनी विकसीत भारत-2047 चो संकल्प पुर्ण करपा खातीर गोंयच्या लोकांनी योगदान दिवपाचो उलो, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी 39व्या गोंय घटक राज्य दिसा निमतान आयज कला अकादमीच्या दिनानाथ मंगेशकर कला मंदीरात आयोजीत सुवाळ्या उलयतना मारलो.

गोंय घटक राज्य दीस हो गोंयच्या इतिहासातलो एक म्हत्वाचो दीस. गोंय परकिय राजवटीतल्यान 19 डिसेंबर 1961 वर्सा मुक्त जाले. उपरांत गोंयच्या लोकांची चळवळ आनी प्रयत्नांतल्यान 30 मे 1987 दिसा गोंयकारांचे घटक राज्याचे स्वप्न पुर्ण जाले. गोंयांक वेगळी अस्मिताय मेळ्ळी. गोंयाक घटक राज्याचो दर्जो मेळोवपाक गोंयचे फुडारी, सुटके झुजांरी आनी लोकांनी खुप यत्न केले. आयच्या ह्या इतिहासीक प्रसंगार तांचो उगडास करप आवश्यक आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणले.

आयज गोंय राज्यान अनेक मळार तोखणायेची उदरगत केल्ली आसा. स्वयंपूर्ण गोंय करपा खातीर सरकारान अनेक उपक्रम चालीक लायिल्ले आसा. विकसीत गोंय-विकसीत भारत निर्माण करपा खातीर आमी सगळ्यांनी एकवटान काम करपाची गरज आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोंय घटक राज्य दिसाच्या सुवाळ्यात मुख्यमंत्र्यान "उल्लास नवीन भारत साक्षरताय" कार्यावळीखाला गोंय पुर्ण साक्षर राज्य म्हूण जाहीर केले. तशेंच ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान गोंय राज्याचो "गोमंत विभूषण" हो सर्वोच्च नागरी सन्मान पुरस्कार नामनेचे भक्तीसंगीत गायक पं. अजीत कडकडे हांका जाहीर केलो.

मुख्यमंत्र्यान भाशा पुरस्कार जैतिवंत, आयकॉनीक ब्रॅण्ड्स ऑफ गोवा चे मानकरी, उत्कृश्ठ सेवेखातीर भोवमान केल्ले स्ययंपूर्ण मित्र, ग्रामपंचायती आनी खात्यांचें अभिनंदन केले.

सुवाळ्याक माचयेर शिश्टाचार मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो, समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, वीज मंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर, उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर, कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे, महसूल मंत्री श्री. आतानासियो मोन्सेरात, नुस्तेमारी मंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर, उपसभापती श्री. ज्योशुआ डिसौजा, मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, अॅडव्होकेट जनरल देविदास पांगम, भारत सरकारच्या शिक्षण मंत्रालयाच्यो जोड सचीव श्रीमती अर्चना अवस्थी आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्लें.

**राजभास संचालनालया वतीन दिवपात येवपी भाशा पुरस्कार भेटयले**- गोंय घटक राज्य दीस सुवाळ्यात मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं राजभास संचालनालया वतीन दिवपात येवपी भाशा पुरस्कार भेटयले. 2022-23 वर्साचो रवींद्र केळेकार कोकणी भाशा पुरस्कार माणिकराव नायक गावणेंकार हांका, 2023-24 वर्साचो पुरस्कार सुरेश रामचंद्र पै हांका आनी 2024-25 वर्साचो पुरस्कार भिकू बोमी नायक हांका भेटयलो. जाल्यार 2022-23 वर्साचो बा. द. सातोस्कार मराठी भाशा पुरस्कार शंभू भाऊ बांदेकर, 2023-24 वर्साचो पुरस्कार अनिल

सामंत आनी 2024-25 वर्साचो पुरस्कार रमेश वंसकार हांका भेटयलो. 1 लाख रूपया, मानपत्र आनी सन्मानचिन्ह अशें ह्या पुरस्कारांचे स्वरूप आसा.

**आयकॉनीक ब्रॅण्ड्स ऑफ गोवा चो भोवमान**- आपली ब्रॅण्ड उत्पादनां आनी सेवा वरवीं गोंयांक देश-विदेशांत नामना मेळोवन दिवपी उद्देजक आनी वेवसायिकांचोय मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं मानपत्र भेटोवन भोवमान केलो. तातूंत कॅफे तातो, पणजी, बिग फुट, लोटली, गोमंत विद्या निकेतन, मडगांव, पॉल जॉन डिस्टिलरीज, कुंकळ्ळी, झांट्ये कॅश्यु, दिवचल, डांगी ऑप्टिसन, म्हापशें, मावजो फोटो स्टुडिओ, मडगांव, डॉ. कार्मो ग्रासियस हॉस्पिटल, मडगांव, टिटोज, बागा आनी कावी कलाकार सागर मुळे, फोंडे हांचो आस्पाव आसा.

**पुस्तकांचे प्रकाशन**- ह्या वेळार मानेस्तांच्या हस्तुकीं कला आनी संस्कृती खात्यान प्रकाशीत केल्ल्या "गोंयची देवळां," " गोमंतकीय दुर्गांच्या वाटेवर" आनी "विकास पथ-गोंयच्या बदलाची वाटचाल" ह्या पुस्तकांचे विमोचन जाले.

तशेंच पुरातत्व खात्यावतीन तयार करपात येवपी "भारत है हम-गोंय अध्याय" ह्या वॅब सिरीजाचो प्रोमो लाँच केलो.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान सुटके झूजाऱ्यांच्या भुरग्यांक आनी कामार आसतना मरण आयिल्ल्या सरकारी कर्मचाऱ्यांच्या कुटुंबांतल्या सदस्यांच अनुकंपा येवजणेखाला नोकरेची नेमणूक पत्रांय भेटयली.

सुरवातीक मुख्यमंत्र्यान पुरातत्व खात्यान आयोजीत केल्ल्या "गोंय- तेन्नाचे आनी आताचें " ह्या विशयावयल्या फोटो प्रदर्शनाचे उक्तावण केले.

सुरवातीक शिश्टाचार मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांणी मानेस्तांक माचयेर येवकार दिलो. निमाणे समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी उपकाराचे उलवप केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/504

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.